आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक विभाग

२९. ०१. २०२५ ७. २०

मुखेल खबरो

१ आदीवासी समाजातल्या विद्यार्थ्यांक शिक्षण मळार तेको दीवपी मुख्यमंत्री शिक्षा सहाय्य येवजण चालीक लावपाक आयज मंत्रीमंडळाच्या बसकूत मंजुरी दील्या

२ गोवा मराठी अकादमी आनी रविंद्र भवन साखळी हांणी जोडपालवान घडोवन हाडिल्लो 'सृजनसंगम २०२५ ' ह्या युवा महोत्सवाची कार्यावळ जाहीर जाल्या.

३ राश्ट्रीय नाट्य विद्यालय वतीन 29 जानेवारी ते 16 फेब्रुवारी ह्या काळात 25 व्या भारत रंग ह्या नाट्यमहोत्सवाचे आयोजन गोंयांत केला.

४ म्हापशें जाल्ल्या अपघातांत गंभीर जखमी जावन ब्रेन डेड जाल्ल्या मजुरान गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत अवयवदान केलें.

**Rashmi 80**

आदीवासी समाजातल्या विद्यार्थ्यांक शिक्षण मळार तेको दीवपी मुख्यमंत्री शिक्षा सहाय्य येवजण चालीक लावपाक आयज मंत्रीमंडळाच्या बसकूत मंजुरी दील्या अशी म्हायती मुखेल मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ते मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. ह्या निर्णयाशिविय महसुल खात्याची 4 हजार चौखण मीटर जागा भलायकी खात्याक मुळावे भलायकी केंद्र बांधपाक दील्या अशीय म्हायती मुखेल मंत्र्यांन ह्यावेळार दील्या.तशेंच कीर्लपाल दाबाळ हांगच्या श्री सातेरी देवस्थानाचे नुतनीकरण आनी सोबीतीकरणाच्या कामाक आयच्या मंत्रीमंडळात मंजुरी दील्या. ह्या निर्णयासयत कंत्राटी पद्धतीचेर नोकरभरती, कांय सरकारी प्रकल्पाच्या कामांक मंजुरी दिवपाचोय निर्णय आयज जाला.

**Subhash 95**

गोवा मराठी अकादमी आनी रविंद्र भवन साखळी हांणी जोडपालवान घडोवन हाडिल्लो 'सृजनसंगम २०२५ ' ह्या युवा महोत्सवाची कार्यावळ जाहीर जाल्या. २५ फेब्रुवारीक जावपी ह्या युवा महोत्सवात वांटेकार जावंचे खातीर उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी आनी महाविद्यालयांनी आपले पंगड तयार दवरचे अशें आवाहन गोवा मराठी अकादमीन केलां. गीत , नृत्य, नाट्य काव्य , वेषभूषा , रांगोळी , भित्तीपत्रक अश्या साबार कला प्रकारांत वांटो घेवपाक आपल्या शाळा - महाविद्यालयाच्या

प्राचार्या मार्फत गुगल फॉर्म भरचो अशें ह्या विशींच्या खबरेंत म्हळां. सृजन संगम महोत्सवाविशीं चड म्हायती खातीर गोवा मराठी अकादमी कडेन संपर्क सादचो अशें अध्यक्ष प्रा. अनिल सामंत हांणी कळीत केलां.

**DIP 80**

मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत करपी वेगवेगळ्या कार्यावळीक दिव्यांक व्यक्तिंक हजर रावपाक सोयिस्कर जावचें म्हूण संस्थेन व्हिलचेर सुविधा उपलब्ध केल्या. व्हिलचेर सुविधा उपलब्ध केल्ल्यान दिव्यांग व्यक्तिंक इमारतीच्या सोपणा वयल्यान पयल्या माळ्यार सुरक्षीत आनी सोपेपणी वचपाक मेळटले. मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत करपी कार्यावळीक उपस्थित रावपाक कोणाकच अडचण येवची न्हय आनी दिव्यांग व्यक्तिं हक्क कायद्याच्या तजवीजीची अंमलबजावणीच्या उद्देशान व्हिलचेर सुविधा उपलब्ध केल्या. संस्थेचे अध्यक्ष दशरथ परब हांणी व्हिलचेर सुविधेचे उक्तावण केले. संस्थेचे वांगडी सचीव अशोक परब हेय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

**Rashmi 95**

राश्ट्रीय नाट्य विद्यालय वतीन 29 जानेवारी ते 16 फेब्रुवारी ह्या काळात 25 व्या भारत रंग ह्या नाट्यमहोत्सवाचे आयोजन गोंयांत केला.एक रंग श्रेश्ठ रंग ह्या संकलप्नेवरवी ह्या आंतरराष्ट्रीय महोत्सवाचे आयोजन गोंयांत जाता. पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिननाथ मंगेशकर सभाघरात हो नाट्य महोत्सव सुरु आसा. ह्या महोत्सवाचे आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळ्याउपरांत नागमंडल ह्या गिरीश कर्नाड लिखित नाट्य प्रयोगाचे सादरीकरण जाले. ह्या महोत्सवात गोवा, दिल्ली, अगरताला, अहमदाबाद, बंगळुर, भोपाळ, गोरखपुर, जयपुर, काळमांडु, खैरागर, तशेंच रांची ह्या शारातल्या नाट्यप्रयोगाचो आसपाव आसा.

**Pradeep 70**

जानेवारी 2024 ते डिसेंबर 2024 ह्या काळांत प्रकाशित जाल्ल्या मराठी भाशेंतल्या उत्कृश्ट विज्ञान विषयक पुस्तकाक मराठी विज्ञान परिषदेतर्फे ‘उत्तम विज्ञान पुस्तक पारितोषिक’ (रोख रुपया 1,000/- रुपया आनी प्रमाणपत्राच्या रुपांत) दितल. मात ते हस्तलिखित, पाठ्यपुस्तक, संपादीत वा अणकारीत स्वरुपांत आसूंक फावना. इत्सूक लेखक-प्रकाशकांनी आपल्या पुस्तकांचीं दरेकीं तीन प्रती, 20 फेब्रुवारी 2025 मेरेन तपशीलासयत (नांव, पत्तो, दूरध्वनी, ईमेल) धाडचो. संपर्क: मराठी विज्ञान परिशद,

विज्ञान भवन, वि.ना.पुरव मार्ग, शिव-चुनाभट्टी, मुंबय 400022, मोबा. ९९६९१००९६१ हाचेर संपर्क साधचो

**RAJASHRI 50**

विज्ञान परिषद गोय आणि विज्ञान आणि तंत्रज्ञान खाते घडोवन हाडटा सायन्स फिल्म फेस्टिवल ऑफ इंडिया. २९ जानेवरी ते १ फेब्रुवारी इ एस जी संकुलात हो महोत्सव जातलो. फिल्मच्या माध्यमातल्यान विज्ञानाक उर्बा दिवपाचो ह्या महोत्सवांचो हेत आसा. विज्ञानाच्या ह्या मनरिझवणे वांगडा शिकवण जावपी भव्य महोत्सवाक व्हडा संख्येनं उपस्थित रावपाचे आवाहान मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी केला.

**GANESH 175**

म्हापशें जाल्ल्या अपघातांत गंभीर जखमी जावन ब्रेन डेड जाल्ल्या मजुरान गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत अवयवदान केलें. काळीज, फुफ्फुस, यकृत आनी दोन मुत्रपिंड (किडणी) ह्या अवयवांचे दान केलें. हाका लागून पांच जाणांचे जीव वाटावपाक मजत जातली, अशी म्हायती गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलाचे डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार हांणी सांगलें.
ह्या व्हड त्यागा खातीर अवयवदान केल्लो मजूर गोविंंद यादव हांची घरकान्न जागृती यादव हिचो भोवमान केलो. भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांचे हस्तुकीं भोवमान जालो. ह्या वेळार डीन डॉ. शिवानंद बांदेकार आनी हेर दोतोर हाजीर आशिल्ले.
मूळ जबलपूर (मध्य प्रदेश) हांगच्या गोविंद यादव ह्या मजुराक म्हापश्यां अपघात जालो. ह्या अपघातांत तो गंभीर जखमी जालो. गोंय वैजकी म्हाविद्यालयान ताका ब्रेन डेड घोशीक केलो. ताचे अवयव हेर दुयेंतींक उपेग जावंक शकता, अशी स्थिती आशिल्ल्यान ताच्या घरकान्नी कडेन अवयवदाना खातीर मान्यताय मागली. ताचे दोनूय मुत्रपिंड (किडणी) गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत उपचार घेवपी 35 आनी 36 वर्सांच्या बायलां दुयेंतींकट्रान्सप्लांटकरतले.ताचे काळीज रिलायन्स हॉस्पिटल मुंबयच्या 55 वर्सांच्या दुयेंतीक ट्रान्सप्लांट करतले. ताचे यकृत (लीवर) जेडुस हॉस्पिटल (अहमदाबाद) च्या 39 वर्सांच्या दुयेतीक ट्रान्सप्लान्ट करतले. फुफ्फुसा खातीर योग्य दुयेंती मेळूंक नाशिल्ल्या कारणान ते नोट्टो मार्फत अपोलो हॉस्पिटल दिल्ली हांगा धाडलें.

**RAJASHRI 80**

जीवनगौरव श्रेणीत द्रोणाचार्य पुरस्कारान सन्मानित गोंयचो फामाद फुटबॉल प्रशिक्षक अर्मांडो कुलासो हांचो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, हांणी भोवमान केलो. हे वेळार नुस्तेमारी मंत्री नीलकंठ हळर्णकर आनी आमदार रेजिनाल्डो हाजीर आशिल्ले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मापुसाच्या गणेशपुरी हांगाच्या श्री गणेश विद्यामंदिर हांगा नर्सरी हॉल, शाळा हॉल, शाळेची वेबसायट आनी शाळेची यादस्तीक 'अंतर्नाद' हांचें उक्तावण केलें.

मजगती मावीन गुदिन्हो हाणी बोगामालो बीच पार्किंगांत नव्या के टी सी एल वास्को-बोगामालो बशीचें उक्तावण आनी पांचवो बावटो दाखयलो. हो उपक्रम थळाव्या लोकांक आनी पर्यटकांक विश्वासाई, आरामदायी आनी सोयीचें येरादारी साधन सुनिश्चीत करता.

**RAJASHRI 120**

प्रतिभेचा स्फुल्लिंग अशील्या गोमंतकीय लेखकांक मराठीत कसदार साहित्य निर्माण करपाक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतनने साहित्य पुरस्कार योजना १९८२ वर्सा पासून सुरवात केल्या. यावर्षी (२०२४-२०२५) या योजनेखाला प्रवासवर्णन, शास्त्रीयआणि समीक्षात्मक प्रकार आसात

वयल्या पैकी प्रत्येक साहित्य प्रकारांतल्या एका सर्वोत्तम पुस्तकाक रुपया ३,००० रोख पारितोषिक आणि प्रमाणपत्र दिसले. . याशिवाय बालवाड्मय हो वेगळा साहित्यप्रकार मानतले आणि दरवर्सा बालसाहित्य प्रकारातल्या सर्वोत्तम पुस्तकाक रु. ३,००० रोख पुरस्कार आणि प्रमाणपत्र दिसले. तरी नवोदित लेखकांनी ह्या साहित्य प्रकारांतली आपली पुस्तका या योजनेखाला पुरस्काराखातीर धाईडची अशे आवाहन संस्थेन केला. प्रत्येकान आपल्या साहित्यकृतीच्या तीन प्रती धाडच्यो . हस्तलिखित धाडल्यार चलता . संस्थेच्या छापील पत्रासंयत साहित्य धाईडपाची निमणी तारीख ११ मार्च २०२५ आसा . अर्ज पत्र आणि नियमावली चिटणीस गोमत विद्या निकेतन, आबादे फारिया रोड, मडगाव-गोवा ४०३ ६०१ हांगा धाडचे.

**RAJASHRI 180**

अन्याय रहित जिंदगी म्हळ्यार अर्जे हे संस्थेन तयार केल्ल्या पुस्तकांत लैंगीक वेव्हाराक बळी पडपी लोकांच्या पुनर्वसन आनी अर्थीक आत्मनिर्भरते खातीर उपक्रमांची गरज आसा हाचेर भर दिला. गोंयांतल्या लैंगीक वेव्हाराच्या समस्याचेर

उपाय सोदून काडपा खातीर 23-24 ऑक्टोबराक जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय सल्लागाराची म्हायती ह्या पुस्तकांत आयल्या. अर्ज हे संस्थेन, गोवा राज्य बायलां आयोग आनी एकपॅट लक्सेंबर्ग यांच्या सहकायन ही सल्लामसलत आयोजित केली. महाराष्ट्र, अस्तंत बंगाल, दिल्ली, उत्तर प्रदेश नेपाळ, बांगलादेश, आनी केनिया ह्या सारक्या देशांतल्या प्रतिनिधींनी ह्या सल्लागारांत वांटो घेतिल्लो. ह्या परिसंवादांत पुलीस, न्यायालयीन अधिकारी, बिगर सरकारी संघटनांचे प्रतिनिधी, आनी बायलां आनी भुरगीं उदरगत खातें अशा वेगवेगळ्या भागधारकांक एकठांय हाडून लैंगीक वेपार थांबवपाचे मार्गांचेर चर्चा केली. उपायांचेर जावपी सत्रांनी लैंगीक वेव्हाराचीं मुळावीं कारणां, बळी पडपी लोकांचो अणभव, तस्करीचे प्रकार आनी गुन्यांवकारांचेर केल्ली कारवाय हांचे विशीं म्हायती दिली. गोंयांतल्या आश्रय घरांनी मानसोपचारीक कार्यावळी, कुशळटाय उदरगत, उत्पन्न निर्माण करपाचे कार्यावळी अशा उपलब्ध सुविधांचेर चर्चा जाली. बळी पडल्ल्या बायलांक रोजगार दिवप, वेपाराचीं मुळावीं कारणां सोडोवप, राज्य आनी राष्ट्रीय पांवड्यार समजिकायेची कबलात करप हांचो आस्पाव मुखेल शिफारशींत आसा. तशेंच शिक्षण आनी जागृताये वरवीं संवेदनशीलताय निर्माण करप आनी तस्करीच्य जाळ्यांतल्यान पीडितांक भायर काडपा खातीर वेगवेगळ्या सेवांचें समन्वय करप हाचेर भर दिला. हीच सविस्तर म्हायती पुस्तकांत दिल्या.

**DESK 120**

गोंय शालांत मंडळान १ मार्च सावन सुरू जावपी धावेच्या परिक्षेचे अंतीम वेळापत्रक जाहीर केलां. अंदू हे परिक्षे खातीर कोलवाळ केंद्राची भर पडल्या. ह्या नव्या केंद्रा सयत ३२ केंद्रांतल्यान ही परीक्षा जातली. ही परिक्षा सकाळीं साडेणव ते दनपारां साडेबारा मेरेन जातली. १ मार्च ते १५ मार्च मेरेन ही परीक्षा चलतली. हाचे उपरांत तंत्रीक विशयांची परिक्षा आसतली. विद्यार्थ्यांनी अर्द वर आदीं परिक्षा केंद्रांत पावंक जाय अशें शालांत मंडळाचे परिपत्रकांत स्पष्ट केलां. एखाद्री सुटी लेगीत जाहीर जाली तरी ही परीक्षा वेळापत्रका प्रमाणच जातली अशेंय शालांत मंडळान सांगलां. मजगती णवेची दुसरी सत्र परिक्षा २१ मार्चा सावन सुरू जातली. ह्या परिक्षेचे सविस्तर वेळापत्रक शालांत मंडळान जाहीर केला. णववेचे परिक्षा केंद्रांनी सीसीटीव्ही कॅमेरे आसप गरजेचें आसा आनी नासत जाल्यार शाळांनी ते लावपाची वेवस्था करची अशी सुचोवणी शालांत मंडळान केल्या.